# फिफा अंडर- 17 वर्ल्ड कप सर्तीच्या सुकाणू समितीची बसका

ता. 15 मे 2017
25 वैशाख 1939

फिफा अंडर- 17 वर्ल्ड कप भारत (गोवा) 2017 सर्तीच्या सुकाणू समितीची पयली बसका हालिच मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांच्या यजमानकेखाला सचिवालयाच्या परिशद सभाघरात जाली.

बसकेक खेळां सचिव श्री. बी. आर. सिंग, सर्तीचे संचालक श्री. श्रीनिवास धेंपो, श्री. झेवियर शेप्पी, रोमा खन्ना, खेळां संचालक श्री.व्ही.एम.प्रभूदेसाय, सरकारी खात्यांचे मुखेली आनी अधिकारी हजर आशिल्ले.

गोंयात फिफा अंडर- 17 वर्ल्ड कप भारत 2017 सर्तीचे यशस्वी आयोजन करपाखातीर विंगड विंगड यंत्रणांची भुमिका आनी जापसालदारकी विशयाचेर भासाभास जाली. बसकेत एएफसी अंडर-16 सर्तीचो उल्लेख करून हे सर्तीक फुटबॉल मोगी प्रेक्षकांकडल्यान कमी प्रतिसाद मेळिल्ल्याचे बसकेत नजरेक हाडून दिले. ते खातीर फिफा अंडर- 17 सर्तीच्या सामन्याकडेन चडातचड प्रेक्षकाक आकर्शीत करपाखातीर सगळयां यंत्रणाच्या जोड पालवान कृती येवजण तयार करपाचेर बसकेच भासाभास जाली. राज्यात सर्तीविशी जागृताय करपाचेर भर दिवपाचेर निर्णय घेतलो.

सर्तीच्या आयोजनात कसलोच गोंदळ वा चूक जावची न्हय म्हुण वेळार उपाय करपाचेर बसकेत भासाभास जाली. तशेंच बसकेत स्टेडियमाचेर आवश्यक साधनसुविधा, कायेराचो विल्हो, उजो पालोवपी यंत्रणां, सुरक्षा उपाय, स्वयंसेवक आनी हेर संबंधित विशयांचेर भासाभास जाली.